कदंब येरादारी म्हामंडळाच्या कर्मचाऱ्यांखातीर विशेंश सत्र- दिव्यांगजनांच्या समस्यांचेर मार्गदर्शन

ता. 9 एप्रिल 2022

कदंब येरादारी म्हामंडळाच्या कर्मचाऱ्यांखातीर आयज पर्वरे संजय स्कुलात विशेंश सत्र आयोजीत केल्ले. ह्या सत्रात बसीतल्यान प्रवास करतना नेत्रहीन आनी कर्णबधीरांक येवपी समस्यांची म्हायती कदंबाच्या कर्मचाऱ्यांच्या नदरेक हांडून दिली.

दिव्यांगजन आयुक्त आनी समाज कल्याण खात्यान कदंबाच्या कर्मचाऱ्यांखातीर सुरू केल्ल्या “विशेंश व्यक्ती हक्क जागरूकताय सत्र” चो एक भाग म्हूण ह्या सत्राचे आयोजन केल्ले.

कदंब ही राज्यांतली भौशीक येरादारी सेवा आसा आनी चडशें दिव्यांग व्यक्ती दर दिसा कदंब बसीतल्यान प्रवास करतात. विशेंश व्यक्तिंच्या समस्यांविशीं हेरांक चड म्हायती नाशिल्ल्यान विशेंश व्यक्तींक साबार अडचणींक तोंड दिवचे पडटा. चालक आनी कंडक्टरांक तांच्या समस्यांची जाणीव करून दिवपाच्या उद्देशान ह्या सत्राचे आयोजन केल्ले.

आदल्यो विशेंश व्यक्ती आयुक्त अनुराधा जोशी आनी राज्य विशेंश व्यक्ती आयुक्त कार्यालयाचे कर्मचारी हांणी संजय शाळेच्या सभाघरांत 50 जणांच्या तुकडीखातीर हो कार्यक्रम आयोजीत केल्लो.

नेत्रहीन महादेव गांवकर हांणी सांकेतीक भाशेतल्यान नेत्रहीनांच्यो समस्यां सांगल्यो.

दिव्यांगजन आयुक्त श्री. गुरूदास पावसकर हांच्या मार्गदर्शनाखाला हे सत्र जाले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/242

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji